२९-१०-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

खर चक्रीवादळ मोंथा मछलीपट्टनम आनी कलिंगपट्टनम मजगती आंध्रप्रदेशात दर्यादेगेर पावल्या उपरांत ताचो नेट जालो कमी, आंध्र प्रदेश आनी ओडीसात पडलो उटंगाराचो पावस.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीक २०२५त वाटेकार जातले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज हरियाणातल्या अंबालात राफेल लढाऊ विमानातल्यान उड्डाण करतल्यो.

कोळसो आनी खाण मंत्री जी. किशन रेड्डी आयज नवी दिल्लीत वेवसायिक कोळसो खाणी लिलावाच्या १४ व्या फेरीयेचो शुभारंभ करतले.

भारत आनी ऑस्ट्रेलिया पंगडामदल्या पाच खेळांच्या टी-२० क्रिकेट खेळामाळेतलो पयलो  खेळ आयज कानबेरात जातलो.

मोंथा - १९०

काल राती आंध्र प्रदेश आनी यानम ह्या मछलीपट्टनम आनी कलिंगपट्टनम मजगती ९० ते १०० किलोमीटर नेटान वारे व्हावपाक लागले. हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण, काल सांजे ७ वरांचेर आंध्र प्रदेशातल्या काकीनाडालागसार मोंथा धडकलो. ह्या चक्रिवादळाक लागून आंध्र प्रदेशात उटंगाराचो पावस पडलो आनी राज्यातल्या ४३,००० हेक्टरवेल्या पिकांचे लुकसाण जाले. हवामान खात्यान आयज आंध्र प्रदेश आनी यानमच्या चडश्या वाठारांत हलको ते मध्यम पावसाचो अदमास उक्तायला, तर कांय सुवातांनी घोंग्यांनी पावस पडूं येता. ह्या तीव्र चक्रीवादळाक लागून काल आंध्र प्रदेशातल्या नेल्लोर जिल्ह्यात सगळ्यात चड पावस पडलो.

मोंथाक लागून  ओडिशात व्हड लुकसाण जावंक ना आनी खबरदारीच्या उपाययेवजण्यांक लागून राज्यात परिस्थीती नियंत्रणात आसा अशें ओडिशाचे मुखेलमंत्री मोहन चरण माझी हांणी सांगले. कांय वाठारात फकत किरकोळ भूंयकाप आनी झाडा हुंमटून पडिल्ल्याची नोंद आसा अशें राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या नियंत्रण कक्षात चक्रीवादळा उपरांतच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतल्याउपरांत, मुखेलमंत्री माझी हांणी सांगले. चक्रिवादळाच्या फाटभूंयेर राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दळान २६ पंगड तैनात केल्यात, तातूंतले १२ पंगड आंध्र प्रदेशात, ६  ओडिशात आनी तीन पंगड उत्तर तामिळनाडूत आसात. केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान आंध्र प्रदेश, ओडिशा आनी तामिळनाडूसयत उदेंत दर्यादेग राज्यांच्या वरिष्ठ अधिकाऱ्यांवांगडा चक्रीवादळ मोंथाच्या तयारेचो नियाळ घेतलो. मंत्रालयान राज्यांक पूराय सहकार्य केला आनी प्रभावी आपत्कालीन वैजकी मजतीखातीर आवश्यक आशिल्ली सगलीप्रकारची मजत करपाचे आस्वासन लेगित दिला.

मोदी - ८०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज इंडिया मेरीटाईम वीक २०२५त वाटेकार जावपाखातीर मुंबईत वतले. ते दर्यादेग तज्ञांच्या परिषदेत उलोवप करतले आनी ग्लोबल मेरीटाईम सीईओ फोरमचे अध्यक्षपद सांबाळतले. ही परिषद दर्यादेग क्षेत्रात सहकार्य

वाडोवपाखातीर आनी भारताच्या सुधारणांचेर उजवाड घालपाखातीर एक बेसबरी माची आसा अशें एका  सोशल मीडिया पोस्टात, प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे. प्रधानमंत्री मोदींच्या दूरदर्शी फुडारपणाखाला, भारताच्या दर्यादेग क्षेत्रान फकत ११ वर्सात तांची बंदर क्षमता दुपेटीन वाडयल्या आनी ह्या क्षेत्रात महत्वाची भूमिका वठयता, अशें पत्रकार परिषदेत उलयताना केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्बानंद सोनोवाल हांणी सांगले.

पियुष गोयल - ब्रुसेल्स - १००

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पियुष गोयल हांची ब्रुसेल्स भोंवडी काल  सोपली. हे भेटीवेळार तांणी एफटीए म्हळ्टार भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलात फुडे व्हरपाखातीर युरोप वेपार आनी आर्थिक सुरक्षा आयुक्त मारोस सेफकोविक हांचेकडेन सविस्तर चर्चा केली. ही चर्चा व्यापक आनी खूप उपेगी आशीली. हेवरवी खूपशे प्रलंबित मुद्दे सोडोवपाक मजत जाली अशें एका सोशल मीडिया पोस्टात, मंत्री गोयल हांणी सांगले. ह्या चर्चेक लागून भारत आनी युरोप मजगती वेपार, गुंतवणूक, तशेच रोजगार निर्मितीक चालना दिवपी एका घटमूट कबलातीची बुनियाद घाला अशेंय तांणी सांगले. ह्या चर्चेक लागून विकास क्षमता वाडटली आनी दोनूंय वटेन धोरणात्मक भागीदारी आनीक घटमूट जातली अशेंय ते उलयले.

Prez 90

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणीआज नवी दिल्लीत भारत मंडपमात जावपी आठव्या आंतरराष्ट्रीय सौर आघाडी (ISA) सभेत मुख्य उलोवप केले.  **Byte**

चार दिसांच्या या जागतिक कार्यक्रमात एकशेचोवीस  देश आणि जगभरातले ४० परस चड मंत्री उपस्थित आसा. या कार्यक्रमान जागतिक समुदायाक सहकार्य वाडोवपाक आनी उज्ज्वल आनी शाश्वत फुडाराखातीर सौर अवलंबनाक गती दिवपाक एकठाय हाडल्या. नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी ISA च्या उक्तावण सत्रात उलोवप केले. **Byte**

प्रधानमंत्री - मंत्रिमंडळ - ५०

सरकार देशातल्या  शेतकारांच्या कल्याणाखातीर वचनबद्ध आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. सरकारान २०२५-२६ रब्बी पिकांखातीर फॉस्फरस आनी पोटाश खतांचेर अनुदान मंजूर करून एक महत्त्वाचे पावल उखलला अशे एका सोशल मीडिया पोस्टात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. ताकालागून शेतकारांक परवडपी दरात खत उपलब्ध जातलेच तेशिवाय तांचे उत्पन्न लेगित वाडतले अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी म्हळा.

राष्ट्रपती - २०

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज हरियाणातल्या अंबालात राफेल लढाऊ विमानातल्यान उड्डाण करतल्यो. एप्रिल २०२३ त राश्ट्रपतीनी   सुखोई ३० एमकेआय झूजारी विमानातल्यान आसामातल्या तेजपूर हवाई दल तळावेल्यान उड्डाण केल्ले.

कोळसो खाणी लिलाव - ९०

कोळसो आनी खाण मंत्री जी. किशन रेड्डी आयज नवी दिल्लीत वेवसायिक कोळसो खाणी लिलावाच्या १४ व्या फेरीयेचो शुभारंभ करतले.  वेवसाय सुलभताय वाडोवप, वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्यान गुंतवणूक आकर्षित करप आनी उद्देग सहभागाक ऊर्बा दिवप हो ह्या लिलावाचो मुखेल हेत आसा अशें कोळसो मंत्रालयान सांगला. पयलेच फावट, लिलावाच्या रचनेत UCG म्हळ्यार भूंयगत कोळसो वायुरुपीकरणाखातीर तरतुदी सादर करता, अशेंय मंत्रालयान म्हळा. १४ व्या फेरीयेत पूरायपणान आनी कांय प्रमाणात सोदील्ल्या कोळश्या खाणींचो एक नवो संच लिलावाखातीर सादर करतले. अणभवी आनी नव्यो कंपन्यो आनी तंत्रगिज्ञानान-चलपी उद्देगांक वाटेकार जावपाखातीर आपोवणे दितले अशेंय कोळसो मंत्रालयान सांगला.

JITENDRA SINGH

कृत्तीम बुद्धिमत्ता म्हळ्यार AI चालीक लायिल्ल्या अणकार साधनांक लागून हिंदीचो प्रसार आनी अर्थ लावप सोपें पडता अशें विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री जितेंद्र सिंग हाणी सांगलां. नवी दिल्लींत मंत्रालयाचे हिंदी सल्लागार समितीचे पयले बसकेंत मार्गदर्शन करतना तांणी सांगलें. हिंदी ही फकत भास न्हय तर भारताचे सांस्कृतीक अस्मितायेचें एक प्रतीक आशिल्ल्यान सगळ्या मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी हिंदीचो वापर गरजेचो अशें मंत्री सिंघ हांणी सांगलें. नागरिकांक तांच्या स्वताच्या भाशेंत शास्त्रीय म्हायती मेळची हे खातीर सगल्या मंत्रालयाच्या संकेतथळां हिंदींत सारकेच सुलभ आसपाक जाय हाचेर तांणी भर दिलो. भारताची शास्त्रीय आनी तंत्रीक वाड ताच्या विंगड विंगड भाशीक दृश्टीकोना वरवी दाखोवंक जाय अशें तांणी सांगलें. विद्यापिठ अनुदान आयोग कर्मचाऱ्यां खातीर हिंदी आदारीत साधनां दिता, ताका लागून शास्त्रीय संवादांत हिंदीची भुमिका घटमूट जाता अशे तांणी मुखार सांगले.

IMD 100

भारतीय हवामान खात्यान आयज खातीर ओडिशात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला आनी रेड अलर्ट जारी केला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले दोन ते तीन दीस आंध्रप्रदेश, तेलंगणा, छत्तीसगड, अस्तंत बंगाल, केरळ आनी माहे हांगा घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे कळीत केला . सौराष्ट्र, कच्छ, विदर्भ, गुजरात, बिहार, झारखंड, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश आनी मराठवाडात अशीच परिस्थिती आसतली. तशेंच लक्षद्वीप, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, कर्नाटक, उदेंत राजस्थान, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी ईशान्य प्रदेशानी ह्या म्हयन्याच्या 31 तारखे मेरेन वीज आनी वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

क्रिकेट - ६०

भारत आनी ऑस्ट्रेलिया पंगडामदल्या पाच खेळांच्या टी-२० क्रिकेट खेळामाळेतलो पयलो  खेळ आयज कम्नबेरातल्या मनुका ओव्हलात जातलो. हो खेळ भारतीय वेळेप्रमाण दनपारा १ वरां जावन ४५ मिनिटांचेर सुरु जातलो. सूर्यकुमार यादवच्या फुडारपणाखाला भारतीय पंगड जैतान ह्या खेळा माळेची सुरुवात करपाचो यत्न करतलो. ही खेळामाळ दोनूंय पंगडाखातीर म्हत्त्वाची आसा. फुडल्या वर्सा फेब्रुवारी-मार्चात जावपी  संवसारीक कपच्या तयारेखातीर लेगित ही महत्त्वाची खेळामाळ थारतली.